**मेनेझिस ब्रागांझा संस्थेन गोंय मुक्ती दिसानिमतान आयोजीत केल्ल्या प्रस्नमंजुषा सर्तीचो निकाल**

ता. 26 डिसेंबर 2025

मेनेझिस ब्रागांझा संस्थेन 18 डिसेंबर 2025 दिसा गोंय मुक्ती दिसाच्या आदल्या दिसा गोंयच्या महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यां खातीर प्रस्नमंजूषा सर्त आयोजीत केल्ली. संस्थेन गोंयचो इतिहास, स्वातंत्र्य चळवळ, कला, संस्कृती, साहित्य आनी हेर संबंदीत विशयांचेर आयोजीत केल्ल्या प्रस्नमंजूषा सर्तीचो निकाल जाहीर केला.

गॉडविन नाईक आनी वेलबर्ट रॉड्रिग्ज - एचपीएसएम गणपत पार्सेकर कॉलेज ऑफ एज्युकेशन, हरमल, पेडणे हांका पयले इनाम 5,000/- रूपया, ट्रॉफी आनी प्रमाणपत्र, कौशल शिरगावकर आनी ऋषिकेश कलघाटकर – गोंय विद्यापीठ, ताळगांव हांका दुसरे ४,०००/- रूपया, ट्रॉफी आनी प्रमाणपत्र, जोशुआ डीसूझा आनी महक सिंग - व्हीएम साळगावकर कॉलेज ऑफ लॉ, मिरामार हांका तिसरे इनाम ३,०००/- रूपया, ट्रॉफा आनी प्रमाणपत्र फावो जाले. जाल्यार दिया प्रशांत फडते आनी साक्षी सोमनाथ नाईक, सरकारी कॉलेज खांडोळा, निर्मला यादव आनी आर्य ज्ञानेश कर्पे - डॉन बॉस्को कॉलेज, पणजी, हांका रोख 2,000/- आनी प्रमाणपत्र स्वरूपात उमेद वाडोवपी इनाम फावो जाले.

इनामां वाटप कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हूण धेंपे वाणिज्य म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. मनोज कामत हांच्या हस्तुकीं जैतिवंतांक इनामां भेटयली. संस्थेचे अध्यक्ष दशरथ परब, वांगडी सचीव अशोक परब, क्वीज मास्टर नागेश सरदेसाय कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/982

--
-------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.